*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>लोकांनी विकास प्रक्रियेत सक्रिय वाटो घेवपाची गरज- आयुषमंत्री</u>**

ता. 16 ऑक्टोबर 2019

लोकांनी समाज आनी राज्याच्या विकास प्रक्रियेत सक्रिय वाटो घेवपाची गरज आसा. समाज हिताच्या कार्याक प्रत्येकान सहकार्य करपाक जाय. लोकांचो सहभाग आनी सहकार्य मेळत जाल्यार कसलेय उदरगतीचे काम यशस्वी जावपाक पावता, अशें केंद्रीय आयुष राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी काल सांपेद्र-ओल्ड गोवा हांगा मातृभुमी सेवा प्रतिश्ठानान गरजू लोकांक वक्लां वाटपा खातीर आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

श्री. नाईक हांणी फुडें उलयताना सांगलें, आयुष मंत्रालयान राज्यांत आयोजीत केल्ल्या नॅच्युरोपॅथी शिबीरांचो पन्नास हजारां वयर लोकांनी फायदो घेतलो. लोकांनी अशां उपक्रमांचो फायदो घेवन आपल्या आरोग्याची काळजी घेवपाक जाय. मातृभुमी सेवा प्रतिश्ठान सामाजीक सेवेचो भाग म्हूण राज्यांत साबार कडेन फुकट भलायकी तपासणी आनी दोळे तपासणी शिबीरांचे आयोजन करता. मातृभुमी सेवा प्रतिश्ठानान आयोजीत केल्ल्या अशां शिबीरांनी 9782 लोकांनी आरोग्याची तपासणी करून घेतली आनी तांतूतल्या 6513 लोकांनी वैजकीय सुविधांचो लाव घेतलो, अशेंय आयुष मंत्र्यान सांगलें.

आमदार आनी उत्तर गोंय पीडीएचे अध्यक्ष श्री. फ्रान्सिस सिल्वेरा हांणी आयुष मंत्र्यांची समाज सेवेखातीर तोखणाय करून लोकांनी सामाजीक उपक्रमांक सहकार्य करपाची गरज उकतायली.

उडपीच्या प्रसाद नेत्रालयाचे वैजकीय अधिकारी डॉ. कृष्णा प्रसाद कुडलू हांणी प्रसाद नेत्रालयाच्या सेवेची म्हायती दितना हालीच आयोजीत केल्ल्या दोळे तपासणी शिबीरांत 583 लोकांच्या दोळ्यांची तपासणी करून 354 जाणांक वक्लां दिली आनी 26 जाणांच्या दोळ्यांचे कॅटारेक्ट ऑपरेशन केले, अशें सांगलें.

प्रो. रामराव वाघ आनी इस्सीलर फांऊडेशनाचे कार्यकारी संचालक श्री. धर्माप्रसाद राय हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

मातृभुमी सेवा प्रतिश्ठानचे जनरल सेक्रेटरी श्री. सुरज नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. श्री. भास्कर नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/704